२५-०७-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो

कामकाज स्थगित -

गोंय विधांसभा अधिवेशनाच्या चौथ्या दिसा नगर नियोजन खात्याचे प्रस्नाच्यो जापो दिवच्या बदला हे विशय न्याय प्रविष्ट आसा अशी निमता सागुन नगर नियोजन खात्याचो मंत्री विधानसभेत विचारील्ला प्रस्नाक जाप दीवचे टाळता असो आरोप करीत विरोधकांनी काल प्रस्नोत्तराच्या वेळार सभाघरात बोवाळ घालो. नगर नियोजन कलम ३९ ए ह्या विशयाचेर विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी विचारील्या प्रस्नाक जाप दींवक नाशिल्लान उपरांत सभाघरात वातावरण तापले. विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव सयत कार्लोस फरेरा, आमदार वेन्जी विएगश, विरेश बोरकार, क्रुज सिल्वा, विजय सरदेसाय, हांणी सभापतीच्या आसना मुखार वचुन पयली प्रस्नाच्यो जापो मंत्र्यान दिवच्यो म्हणीत बोवाळ घालो. जाल्यार मंत्री विश्वजीत राणे हांणी परत एकदा विशय न्यायप्रविश्ट आशिल्लयान जाप दिंवक शकना अशे म्हणुन विरोधकांची मागणी अमान्य केल्ली. उपरात विरोधकांनी सभापती आसनामुखार दिमयेर बसुन मागणी मान्य करची अशे म्हणीत सभाघरात बोवाळ वाडयलो. विरोधकांच्या ह्या बोवाळान सभाघराचे कामकाज चलोवपाक दिना म्हण उपरात सभापती रमेश तवडकार हानी सभाघर १० मिनिटाखातीर स्थगित केले. जाल्यार १ मिनिटा उपरांत सभाघराचे कामकाज परत सुरु जातकच विरोधकानी सभाघराचे कामकाज चलोवपाक दिवचे अशे सागुंन विरोधकांची समज सभापतीन काडले उपरातं कामकाज सुरु जाले.

युरी-ढवळीकर -

साळगावा विजेचो टावर शेतात मातयेचो भराव घालून व्हेल्ल्यान लोक भीयेल्यात हाचेविशी आमदार कार्लोस फेरेरा हांणी वीजमंत्री सुदिन ढवळीकार हांका विचारील्ल्या प्रस्नाक ताणी जाप दिली.

आमोणकार - राणे -

ओटीझम आशिल्या दुयेतींक गोंय वैजकीय म्हाविदयालयात उपचार घेतना सध्या गुंगी घेवपाक GMCच्या पोरण्या इमारतीत वच्चचे पडटा, उपरांत सुपर स्पेशेलिटी हॉस्पिटलात येवन फुडले उपचार घेवचे पडटा, जर ही गुंगी दुयेतीक लागली ना जाल्यार परत गुंगी घेवपाक पोरण्या GMCत वच्चे पडटा, आणि परत - परत यो वच- करप शक्य नासता, ताका लागुन भलायकि मंत्री विश्वजीत राणे हांणी गुंगी दिवपी विभागय सुपर स्पेशेलिटी हॉस्पिलात दवरचो अशी मागणी शुन्य वराक संकल्प आमोणकार हांणी केली. जाल्यार आमदार जीत आरोलकार हांणी रत्यार हेडगी गोरवा बसताशील्लयान अपघाताचे प्रमाण वाडला. गोरवा उक्ताडार सोडपी गोरवांच्या धनयाआड कडक कारवाय करची अशी मागणी केली. आमदार वेन्झी विएगश हांणी बाणावली मतदारसंघातल्या दर्यादेग वाठारात धुपाचो प्रस्न परत उप्रासुंक लागला हे सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले.

सी एम - फेरेरा -

वारस नाशिल्लया मालमत्तेच्या कायद्याक लागुन विरोधकांनी आयज सभाघरात बोवाळ घालो. वेबावरस आशिल्लोय जमनि सरकार लाटपाक सोदता असो आरोप कॉग्रेसीचे ज्येष्ठ आमदार कार्लुस फरेरा हांणी केलो. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आमदार फरेरा हांणी केल्लो हो आरोप न्हंयकारत आमदार फरेरा सरकाराची बदनामी करता अशे म्हणले. जमनि लाटपी प्रकरणा लक्षात येतकच सरकारान SIT स्थापन करुन जमिन पडप प्रकरणा आड कडक कारवाय केल्यात. SIT वरवी आजुन मेरेन २२ प्रकरणाचो तपास पुराय जाला. जाल्यार ३० प्रकरणा चलता. आजुन मेरेन ४१

जणांक  अटक केला. जे दोशी थारल्यात तांचेर कारवाय लेगीत केल्या. सरकार जमनी लाटपाक सोदता ह्या आमदार  फरेरा केल्लया आरोपात कांयच तथ्य ना अशें मुखेलमंत्र्यानी म्हळा.

IMD 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान **28.5** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **23.4** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी व्हडा  प्रमाणात पावस पडू अशे वेधशाळेन कळीत केला

राज्यपाल निरोप - १००

गोंयचे राज्यपाल पी एस श्रीधरन पिल्लई हांका काल राजभवनाच्या दरबार हॉलांत आयोजीत कार्यावळीत निरोप दिलो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय उर्जा राज्यमंत्री  श्रीपाद नाईक, भलायकी मंत्री  विश्वजीत राणे, गोंय विद्यापाठाचे कुलगुरू प्रो. एच. बी. मेनन, राज्यपालाचे सचीव संजीव गावस देसाय, खासा अधिकारी आर. मिहिर वर्धन आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार हाजीर आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयतना मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राज्याचे प्रशासन बरे तरेन चलोवपाक सहकार्य केल्ले खातीर राज्यपालाचे उपकार मानले.

केंद्रीय उर्जा राज्यमंत्री  श्रीपाद नाईक हांणीय राज्यपालांनी गोंयच्या लोकांच्या कल्याणा खातीर केल्ल्या वावराची तोखणाय केली.

निरोपाच्या कार्यावळीत राज्यपालानी 38 कॅन्सर आनी डायलिसिस दुयेंतींक अर्थिक मजत भेटयली. तशेंच लोककल्याणकारी वावर करपी संस्थांकय अर्थिक मजत भेटयली.

क्रिकेट - ६०

मॅन्चेस्टरात सुरु आशिल्ल्या अँडरसन-टेंडुलकर ट्रॉफीच्या चवथ्या कस लावपी क्रिकेट खेळात काल दुसऱ्या दिसाचो खेळ सोपलो तेन्ना इंग्लंड पंगडान पयल्या डावांत 2 बाद 225 धांवड्यो केल्ल्यो. येजमान इंग्लंड पंगड आजूनूंय १३३ धावंड्यानी फाटी

आसा. तेआदी, भारताचो पयलो डाव ३५८ धावंड्यात सोपलो. भारताच्या आघाडीच्या फलंदाजांनी बेसबरो खेळ केल्या उपरांत, जखमी आशिल्लो खेळगडो ऋषभ पंतान ५४ धावंड्यांचे योगदान दिले.  शार्दुल ठाकूर हांणे ४१ धावंड्यो केल्यो.